# सरकारी पांवड्याचेर  आयुर्वेद दीस मनयलो

ता. 29  ऑक्टोबर 2024

राज्य आयुष सोसायटी, राष्ट्रीय आयुष मिशन आनी भलायकी सेवा संचालनालय हांच्या जोड पालवान आयज सचिवालयातल्या सेमिनार सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात सरकारी पांवड्याचेर 9  वो  आयुर्वेद दीस मनयलो.

कार्यक्रमात उलयतना  भौशीक भलायकी उपसंचालक डॉ. रुपा नाईक हांणी आयुर्वेदामदी नवीन संशोधन जावपाची  तशेंच आधुनिक तंत्रज्ञानाचो अवलंब करून दुयेंतीचे अचूक रोगनिदान आनी उपचार जावपाची गरज व्यक्त केली. आयुर्वेद ही एक प्राचीन उपचार प्रणाली आसून  ताणतणाव, जीवनशैली आनी हेर कारणांक लागून जावपी दुयेंसाचेर एक उपयुक्त उपचार पद्दत म्हूण संवसारात वळखतात. सरकार लोकांक उत्कृश्ट  आयुर्वेद उपचार सुविधा दिवपा सयत आयुर्वेदिक उपचार पद्दतीक प्रोत्साहन दिता, अशें डॉ.  नाईक हांणी सांगलें.

आयुर्वेद इनोव्हेशन फॉर ग्लोबल हेल्थ ह्या आयुर्वेद दिसाच्या संकल्पनेचो उल्लेख करून डॉ.  नाईक हांणी आयुर्वेदाच्या पारंपारिक उपचार पद्दती वरवीं मनशाची भलायकी निरोगी दवरून दुयेंसापासून पयल कशें रावप हाचेर भर आसतलो,  अशें सांगलें.

आयुष सोसायटीच्यो उपसंचालक  डॉ. मीनल जोशी हांणी आपल्या भाशणात  आयुर्वेद दीस मनोवपा फाटलो  उद्देश लोकांमदी आयुर्वेदा विशीं जागरुकताय करप आनी  आयुर्वेदिक वैजकीय उपचार पद्दतीचो  प्रसार  करप हो आशिल्ल्याचें सांगलें.

सर्वसामान्य प्रशासन विभागाचे अवर सचिव श्री शैलेश डी सिल्वा हांणी आयुर्वेदिक उपचार पद्दतीचे म्हत्व सांगतना निरोगी भलायकी खातीर मनशान नियमीत योगसाधना आनी व्यायाम करपाची गरज व्यक्त केली.

ह्या वेळार आयुर्वेद उपचार पद्दतीतल्या योगदाना खातीर डॉ., अनुपा नाईक, पीएचसी खोर्ली, डॉ.  गौरी प्रभू, पीएचसी शिरोडा. डॉ.  पुष्पराज आमोणकर, पीएचसी शिवोली,, डॉ. सुप्रिया प्रभू, पीएचसी मडगांव, डॉ.  आदित्य बर्वे, डॉ.  स्वाती अणवे, पीएचसी हळदोणा हांचो सत्कार केलो.

कार्यक्रमाक भलायकी केंद्रांचे भलायकी अधिकारी आनी दोतोर उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/592

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.